3rd April 2026 7.25am

सीएम वेलनेस -

कॅन्सर, गोडेंमूत, कीडणी, लिव्हर अशे तरेच्या दुयेसांचें प्रमाण वाडील्ले पळोवपाक मेळटा. हे फांटभुयेर जण एकल्यान, आपल्या भलायकेची कुयदात घेवप गरजेचे आसा. हे खातीर आयुष वेलनेस, ही एक बरी उपचार पद्धत थारु शकता, अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हळा. पर्वरे सचिवालयाच्या कर्मचाऱ्यांखातीर आयुश वेलनसाचे खासा केंद्र चालीक लायले. ह्या केंद्रांचे उक्तावण केल्या उपरांत ते उलयताले.

बेगीनूच गोमेकॉत आयुष ओपीडी सुरू करतले. गोंयच्या मुळाव्या भलायकी केंद्रांनी, आयुश ओपीडी सुरू आसा. आयुश उपचार पद्धत, आनी योगा हातुंन वेगवेगळ्या दुयेसांचेर मात करू येता, अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा. ह्यावेळार भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी, आयुश उपचार पद्धतीतल्यान खुबश्या दुयेसांचेर उपचार घेवपाक मेळटा. कर्मचाऱ्यांनी ह्या उपक्रमाचो लाव घेवचो, अशे म्हणला. ह्या केंद्रात सचिवालयाचे कर्मचारी, तशेंच सचिवालयात कामानिमतान येवपी हेर सरकारी अधिकारी तशेंच कर्मचारी आनी पत्रकारांक उपचार घेवपाक मेळटले.

गोंयांखातीर स्वतंत्र पोस्टल सर्कल -

राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तनावाडे हांणी राज्यसभेंत, गोंयां खातीर स्वतंत्र पोस्टल सर्कल स्थापन करपाची मागणी केल्या. सध्या गोंय, महाराष्ट्र पोस्टल सर्कल खाला आशिल्ल्यान; राज्याच्यो प्रशासकीय, भाशीक आनी समाजीक गरजो भागवप शक्य जाय ना. गोंयच्या तरणाट्यांक नोकरी मेळपाची संद मेळपाचेर तांणी भर दिलो. स्वतंत्र राज्य आसून लेगीत, गोंय अजूनय दुसऱ्या राज्याच्या पोस्टल प्रशासना खाला आशिल्ल्यान, सेवा दिवपाच्या मळार अडचणी निर्माण जातात, अशे तांणी सांगले. गोंयच्या थळाव्या तरणाट्यांक नोकरेच्यो संदी उण्या प्रमाणांत मेळटात, अशेय ताणी सांगले.

भलायकी मंत्री -

भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांच्या हस्तुकी काल, पर्वरे मुळाव्या भलायकी केंद्राचो बुनयादी फातर बसयलो. 20 कोटी रूपया खर्च करून हे भलायकी केंद्र उबारतले. ह्या वेळार पर्वरेचे आमदार आनी पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे तशेंच गोंय साधन सुविधा उदरगत म्हामंडळाचे अध्यक्ष मायकल लोबो हाजीर आशील्ले.

गोंयाच्या शांरासयत गांवगिऱ्या वाठारात लेगीत, बरी उपचार पद्धत दीवपाक गोंय सरकार वावुरता, अशे भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी म्हणला. स्वताच्या भलायकेची जतनाय घेवपाक, जण एकल्यान महत्व दीवचे. आयज वूगवेगळ्या क्रोनीक दुयेसांचे प्रमाण वाडला, ताका लागुन वेळात उपचार घेवपाक जाय. राज्यात 100 तरी, भलायकी केंद्रा तयार करपाची मोख सरकारान दवरला, अशे मंत्री राणे हांणी म्हळा.

मजगती, मंत्री रोहन खंवटे हांणी ह्या केंद्रात फीजीयोथेरपी तशेंच गोय वैजकीय हाॅस्पिटला बशेन हेर सुविधा उपलब्ध आसप गरजेचे असा, अशे म्हणले. मायकल लोबो हांणी विधानसभा वेंचणुके पयली, पर्वरेचे भलायकी केंद्र उबारतले, अशे म्हणले.

गुड फ्रायडे आनी इस्टर सुशांत -

2026 ह्या काळांत, प्रवाशांची चड गर्दी मतीत घेवन, कोंकण रेल्वेन नैऋत्य रेल्वेच्या समन्वयान, खाशेल्यो रेल्वे गाडयो चलोवपाचो निर्णय घेतला. कोकण रेल्वेचे जनसंपर्क अधिकारी बबन घाटगे हाणी ही माहिती दिली. रेल्वे क्रमांक 06272 मडगांव-बेंगळुरू कँट एक्सप्रेस स्पेशल आयतारा, 5 एप्रिल दिसा सकाळीं 11.00 वरांचेर मडगांव सावन सुटतली आनी दुसऱ्या दिसा सकाळीं 05.20 वरांचेर बेंगळुरू कँटाक पावतली. हे गाडयेंत वट्ट 19 डबे आसतले. ह्या रेल्वे खातीर 1 एप्रील सावन, सगल्या प्रवासी आरक्षण केंद्रांचेर आरक्षण सुरू जाला, अशी म्हायती रेल्वे प्रशासनान दिल्या.

आय.पी.एल. -

आय.पी.एल. क्रिकेट सर्तीत काल राती, कोलकातातल्या ईडन गार्डन्स मैदानाचेर जाल्ल्या खेळात, सनराइजर्स हैदराबाद पंगडान, कोलकाता नाइट राइडर्स पंगडाक 65 धावंड्यांनी हारयले. आयज, चेन्नई सुपर किंग्स पंगड, पंजाब किंग्स पंगडा आड खेळतलो. हो खेळ चेन्नयच्या एम. ए. चिदंबरम स्टेडियमात सांजे सातांक जातलो.

वेदर -

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण, राज्यात चडान चड तापमान 34.7 अंश सेल्सियस आणि उण्यात उणे तापमान 24.7 अंश सेल्सियस इतले नोंद जाला.